# विदेशी नागरीकत्वा बाबतीत मतदारांक कळोवणी

ता. 13 जानेवारी 2026

राज्य वेंचणूक आयोगान विशेश मतदार वळेरीं उजळणी मोहिमे वरवीं तयार केल्लो मतदार वळेरीं मसुदो 16 डिसेंबर 2025 दिसा प्रकाशीत केल्लो आसा. ज्या मतदारांची नावां ह्या मसुदो मतदार वळेरींत आस्पाव केल्ली आसा, अशा मतदारांनी नोंद घेवपाक जाय, की जर तांणी खंयच्याय विदेशी देशाचे नागरीकत्व घेतिल्ले आसत जाल्यार तांणी मतदार वळेरींतल्यान आपले नांव वगळावपा खातीर अर्ज 7 भरून संबंदीत मतदार नोंदणी अधिकाऱ्याक सादर करपाक जाय. जर खंयचीय व्यक्ती भारतीय नागरीक नासल्यार ती व्यक्ती लोक प्रतिनिधीत्व कायदो 1950 च्या कलम 16(1)( अ) प्रमाण मतदार वळेरींत नोंदणी करपाक अपात्र थारता.

तशेंच, जर खंयचीय व्यक्ती मतदार वळेरीं तयारीचे काम, उजळणी वा दुरूस्ती वा मतदार वळेरींत नावाचो आस्पाव वा नांव वगळावपा बाबतीत चुकीची म्हायती/जाहीरनामो दिता आनी ती म्हायती/जाहीरनामो चुकीची आसा वा ताका खबर आसा की ती म्हायती/जाहीरनामो बरोबर ना, अशा वेळार त्या व्यक्तीक लोक प्रतिनिधीत्व कायदो 1950 च्या कलम 31 प्रमाण एक वर्स मेरेन बंदखण वा दंड वा दोनीय ख्यास्त जावपाक शकता.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/44

--

----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.